**बार्बाडोस हांगा जाल्ल्या राष्ट्रकुल संसदीय परिशदेत सभापतीचो सहभाग**

ता. 28 नोव्हेंबर 2025

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री गणेश गावकर हांणी हांलीच बार्बाडोसातल्या ब्रिजटाऊन हांगा जाल्ल्या 68 व्या राष्ट्रकुल संसदीय परिशदेत भाग घेतलो. "द कॉमनवेल्थ-अ ग्लोबल पार्टनर" ह्या विशयाचेर आयोजीत ह्या संवसारीक परिशदेत आधुनिक आव्हानांचेर चर्चा करपाक आनी लोकशाय संस्था मजबूत करपाचे मार्ग सोदपा खातीर वांगडी राष्ट्रांचे संसदीय फुडारी, तज्ञ आनी प्रतिनिधी एकटाय आयिल्लें.

सभापती श्री गावकर हांणी राष्ट्रकुल संसदीय परिशदेतल्या चर्चेविशी म्हायती दितना सीपीसीत जाल्ली चर्चा वेव्हारिक, दूरदृष्टी आशिल्ली, गैर-राजकीय, लोककेंद्रित आनी प्रादेशिक गरजांक अनुकूल अशा पद्धतीन प्रशासन सुदारपाचेर केंद्रित आशिल्ली. चर्चेतले विशय गोंया खातीर उपेगी आनी भौशीक सेवा वितरण आनी कायदेशीर वेव्हारात सुदारणा घडोवन हाडपाक उपेगी थारपाक शकता.

परिशदेत वाटेकार जाल्ल्या प्रतिनिधींनी मजबूत संस्था ही विश्वासार्ह प्रशासनाची बुन्याद आशिल्लयाचे मत मांडले. कामाची मोलावणी, सदस्यां खातीर सुदारीत मजत वेवस्था, नवनिर्वाचित प्रतिनिधीं खातीर दर्जेदार प्रशिक्षण सुविधा ह्या सारख्या धोरणांचेर चर्चा केली. हे मुद्दे लक्षात घेतल्यार गोंयच्या विधानसभेतल्या प्रस्नांचेर आवश्यत संशोधन आनी सचिवालयीन सेवा मजबूत केल्यार आमदारांक कामकाजातल्या विशयाचेर उलोवपाक बरी तयारी करपाक, मुद्देसूद प्रस्न विचारपाक आनी धोरण थारावपाक प्रभावीपणान योगदान दिवपाक मजत जातली.

सभापती श्री गावकर हांच्या मताप्रमाण गोंयच्या प्रशासनात डिजिटल वेव्हार आनी कामकाज वाडोवपाक विधानसभा सत्रांचे थेट प्रक्षेपण, विधानसभेतली भौशीक संवाद-चर्चा सुलभ करपा खातीर पोर्टल आनी ग्रामीण वाठारांनी डिजिटल कुशळटाय कार्यक्रम, तशेंच इंटरनेट नाशिल्ल्या खातीर ऑफलायन चॅनेल ह्या सारखे उपक्रम चालीक लावपाची गरज आसा.

परिशदेत नवीन तंत्रज्ञानाचो नैतिक वापर, पारदर्शकता भौशीक विश्वास राखपा खातीर स्वयंचलित साधनांखातीर डेटा संरक्षण, हवामान बदल आनी पर्यावरण, भौशीक भलायकी, तापमान वाड, दर्यादेगांची धूप, उपजीविकेचेर जावपी परिणाम अशां साबार विशयांचेर चर्चा जाली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/908

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.